गोंय सरकार
म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें
पणजी-गोंय

पत्रक

# युवा महोत्सव 2018-19

ता. 29 नोव्हेंबर 2018
8 मार्गशीर्ष 1940

राज्यातल्या तरणाटयांक संगीत आनी सांस्कृतिक कार्यक्रमांतल्यान आपले कला कौशल्य दाखोवपा खातीर माची उपलब्ध करून दिवपाक खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालयान विभागीय आनी राज्य पांवडयाचेर 17 व्या युवा महोत्सव-2018-19 चे आयोजन केला.

विभागीय पांवडयाचेर फोंडे, सत्तरी आनी धारबांदोडा तालुक्याखातीर ता.12 डिसेंबर 2018 दिसा रविंद्र भवन, सांखळी, पेडणे, बार्देस आनी दिवचल तालुक्याखातीर ता.7 डिसेंबर 2018 दिसा शेतकरी सरकारी संस्था, पेडणे, साश्ट, मुरगांव आनी तिसवाडी तालुक्याखातीर ता. 4 जानेवारी 2019 दिसा रविंद्र भवन, वास्को आनी काणकोण, केपे आनी सांगे तालुक्याखातीर ता. 7 जानेवारी 2019 दिसा रविंद्र भवन, कुडचडे हांगा युवा महोत्सव जातलो. राज्य पांवडयावयलो युवा महोत्सव ता. 10 ते 12 जानेवारी 2019 मेरेन कला अकादमी, कांपाल-पणजी हांगा जातलो.

विभागीय पांवडयावयल्या युवा महोत्सवातल्या पयल्या तीन जैतवंतांची निवड राज्य पांवडयावयल्या युवा महोत्सवाखातीर जातली. विभागीय पांवडयाचेर लोकनाच, लोकगीत, हार्मोनियम, तबला, शास्त्रीय संगीत आनी वक्तृत्व कला प्रकारांनी सर्ती जातल्यो. राज्य पांवडयाचेर भरतनाटयम, कथक, सतार वादन, बासरी वादन, गिटार वादन आनी एकांकिका कला प्रकारात सर्ती जातल्यो.

युवा महोत्सवात सहभागी जावपी कलाकारांची पिराय 15 ते 29 वर्सां आसपाक जाय. म्हळयार 1 एप्रिल 2018 दिसा 15 वर्सां परस कमी आनी 29 वर्सां परस चड आसपाक जायना. कलाकार खंचच्याय एका विभागातल्यान वाटो घेवपाक शकता. इत्सुकांनी विभागीय आनी राज्य पांवडयावयल्या महोत्सवाखातीर ता. 4 डिसेंबर 2018 मेरेन आपल्यो प्रवेशिका खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालयाच्या कार्यालयात सुपूर्द करपाक जाय. प्रवेश अर्ज खेळा संचालनालयाच्या ु.वीूर.सेर.सीं.ळप संकेत थळावयल्यान डाऊनलोड करून घेवपाक जाता.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1772